Akashvani national bulletin 12th October 2025 6.30 pm

Seychelles 58

Seychellesल्सांत जाल्ले राष्ट्रपती वेंचणुकेंत dr Patrick Herminie हांका जैत मेळिल्ल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तांका परबी भेटयली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानी हिंद म्हासागराचें उदक एक, वांटून घेतिल्लें दायज आसून दोनूय राश्ट्रांच्या लोकांची आकांक्षा आनी गरजो पोसतात अशें नदरेक हाडलें. भारत आनी Seychelles हांचे मदीं काळांतरान परिक्षा घेतिल्ले, आनी बहुआयामी संबंडांक खोलायेन गती मेळटली असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

PM SELF RELIANT 119

शेतकारांक आत्मनिर्भर आनी विकसीत भारताचे मुखेल चालक करपा खातीर नवनिर्माण, गुंतवणूक, आनी बाजारांत प्रवेश हांचे वरवीं सशक्त करपाची सरकाराची वचनबद्धताय प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगला . ह्या निमतान प्रधानमंत्र्यान शेतकी क्षेत्रांत पीएम धन धन कृशी येवजण आनी मिशन फॉर आत्मनिर्भारता इन पल्स ह्यो दोन व्हड येवजण्यो सुरू केल्यो.स्वावलंबन, ग्रामीण सशक्तीकरण, शेतकी नवनिर्माण ह्या नव्या युगाक सुरवात करपा खातीर ह्यो दोनूय येवजण्यो तयार केल्यात अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. देशाचे शेतकी वेवस्थेंत नेटान उदरगत आनी सुदारणा साध्य करपाची गरज तांणी उक्तायली. देशांतल्या शेतकारांच्या हितांत सरकारान बियां सावन बाजारपेठे मेरेन व्यापक सुदारणा केल्यात हाचेर तांणी भर दिलो. काल नवी दिल्लींत शेतकी आनी संबंदीत क्षेत्रांतल्या 42 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या प्रकल्पांचो आनी येवजण्यांचो उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले .

---

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोंकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

---

पीएम धन धान  कृशी येवजण आनी मिशन फॉर आत्मनिर्भारत इन पल्सांत देशांतल्या लाखांनी शेतकारांच्या नशीबांत बदल घडोवन हाडटले अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें . स्वावलंबन, ग्रामीण सशक्तीकरण, शेतकी नवनिर्माण हांचो नवो युग सुरू करपा खातीर ह्यो येवजण्यो तयार केल्यात अशें तांणी सांगलें. देशाचे शेतकी वेवस्थेंत नेटान उदरगत आनी सुदारणा करपाची गरज तांणी उक्तायली. नवी दिल्लींत 42 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या प्रकल्पांचें आनी येवजण्यांचें उक्तावण आनी बुन्याद घाल्या उपरांत प्रधानमंत्री एका मेळाव्याक मार्गदर्शन  करताले.शेतकी उत्पादकता वाडोवप, पिकां विविधताय आनी शाश्वत  शेतकी पद्दत आपणावप वाडोवप आनी शिंपणावळ सुविधा सुदारप ह्या उद्देशान 24 हजार कोटी रुपयांच्या खर्चान पीएम धन धन्या कृषी येवजण सुरू केल्या. 11 हजार 440 कोटी खर्च करून पल्सांतल्या आत्मनिर्भारताचें मिशन सुरू केलां. दाळांची उत्पादकता पातळी वाडोवप आनी दाळांच्या लागवडीखाला आशिल्लो वाठार वाडोवप हो ताचो हेत आसा.

---

GST GOA

जीएसटीची नवी सुदारणा गोंयचे अर्थवेवस्थेक खास करून शेतकार, कारागिर, पर्यटन खेळगडे आनी ल्हान वेवसायांक येवकाराची चाल आसा. सुदारीत संरचने खाला पयलीं 12 ते 18 टक्के जीएसटीचो सामना करपी काजूच्या उत्पादनांक आतां

फकत 5 टक्के ओडून घेतात, जाका लागून किरकोळ दर उणे करपाक आनी स्पर्धात्मकताय सुदारपाक मदत जाता.. 18 टक्क्यां वयल्यान 5 टक्क्यां मेरेन स्थलांतरीत जाल्ल्या प्रसाधन सामग्री, मेजवानी आनी नाश्त्याच्या पुरवण सारकिल्या वस्तूंचे दर सुमार 11 टक्क्यांनी उणे जातले

---

भारतीय हवामान खात्यान आयज आंध्रप्रदेश, केरळ, माहे, लक्षद्वीप, ओडिशा, दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी कराईकल हांगा कांय सुवातींनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .